Akashwani Panaji regional news 7.25 am 21st April 2026

राजेश

गोय महाराष्ट्र तशेंच कर्नाटक राज्यातली फामाद जात्रा म्हणून नामनेक पावील्ली शिरगावची श्री लयराई जात्रा आयज सावन सुरू जाता. देवीची जात्रा 21 ते 25 एप्रिल 2026 या पाच दिसांमदीं जाता. अनु वर्सा सरकारी यंत्रणा सज्ज आसा. देवस्थान समितीच्या जोडपालवान लहराई देवीची जत्रा यशस्वीपणान आयोजित जातली असो विश्वास देवस्थान समितीचे अध्यक्षनी परगटायला. येरादारी खाते ,भलायकी खातें,उजो पालोवपी दळ तशेंच हेर सगळ्यौ सरकारी यंत्रणा पुराय तरेन सज्ज आसा आणि मोठ्या भक्ती भावन तसेच उमेदीन ही जात्रा जातली असो विश्वास तानी उक्तायला.

रश्मी

भायल्यान वक्ते हाडपी इव्हेंणट वाल्यांनी राज्याचो धर्मिक एकचार इबाडपी मनशाकं हाडचे न्ही अशें मुखेलमंत्री dr प्रमोद सावंत हांणी कार्यावळी आयोजकांक आवाहन केलां. तशेंच गौतम खट्टरान सेंट फ्रांसिस झेवियराचेर केल्ल्या उलोवपाचेर एफआयआर नोंद जाल्ल्याचें तांणी सांगलें आनी योग्य कारवाय करपाची खात्री ताणी दिल्या. Byte- Cm

गोवा कॉंग्रेसीन गौतम खट्टराआड ओल्ड गोवा पुलिस स्टेशनात कागाळ नोंद करुन राज्याची कायदो आनी सुवेवस्था तशेचं धर्मिक एकचार इबाडपी लोकांचेंर कारवाय करची अशी मागणी केल्या. जाल्यार आम आदमी पक्षान लेगीत खट्टर हांच्या विधानाचो निशेध केला अनि विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गौतम खट्टर हानचेंर गोंयात येवपाक बंदी घालची अशे मागला.

रश्मी

विद्यार्थ्यांक फ़ावो त्या करिअर मार्गाचेर मार्गदर्शन केल्यार फुडल्या पांच वर्सांत गोंय बेकारीचेर मात करूक शकतले अशें मुखेलमंत्री dr प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. तांणी राज्यात करिअरविशी अधिक जागृताये निर्माण करपाच्या गरजेंचेर भर दिलो आनी शिक्षकांक नव्या संदीविंशी अदययावत रावपाचे आवाहन केले. सरकाराच्या 'कॅरियर जागोर उपक्रमाचेर भर दिवन मुखेलमंत्री हांणी शिक्षणतज्ञ आनी विद्यार्थ्यांक करीयर जागोर ह्या उपक्रमावरवी नवे करिअर पर्याय सोदून काडपा खातीर ताणी उर्बा दिली.

दूरदर्शन

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करू शकतात.संपादकीय सहाय्यक पदाखातीर पिराय २५ ते ५० विद्‌यापीठाची पदवी,पत्रकारितेत डिप्लोमा आणि तीन वर्सांचो पत्रकारितेचो अणभव गरजेचो. वृत्तवाचक पदाखातीर पिराय 25 ते 50 वर्सा,पदवी, कोकणी भाषेत निपुणता आणि कॅमेऱ्या मुखार सहज संवाद साधता येवपासारके व्यक्तिमत्व आसप गरजेचे. सीजी ऑपरेटर पदाखातीर, पिराय  २१ ते ५० वर्सा आनी संगणक प्रमाणपत्रा सयत १२ वी उत्तीर्ण गरजेचे. वेबसाइट सहाय्यक पदाखातीर पदवी सयत पत्रकारिता वा जनसंवादात डिप्लोमाजाय. पात्र उमेदवारांनी आपलो बायो-डेटा, रंगीत फोटो आनी शिक्षिणक कागदपत्रा उपसंचालक, दूरदर्शन केंद्र, आल्टिन्हो, पणजी हांगा दिवची

हवामान

तमिळनाडू, कर्नाटक आनी महाराष्ट्र हांगा तयार जाल्ल्या उण्या

दाबाच्या पट्‌ट्याक लागून फुडले तीन दिस राज्यांत गडगड मारून पावस पद्‌पाचो अदमास पणजी वेधशाळेन उक्तायला. हे फाटभुंयेर 23 एप्रीलाक पावसा खातीर 'yellow alert' जारी केला .तशेच  वराक 30 ते 40 किलोमीटर वेगान वारें व्हांवपाचो अदमास आसा.

स्पोर्ट्‌स

Ipl क्रिकेट सर्तींत आयज हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्तदिउमचेर sun risers हैदराबाद आनी देल्ही कॅपिताल्स पांगडा मदी संजेवेला ७.३० वरांचेर मच जातली